**वारकरी येवजणे खाला नोंदणी करपाक अर्ज मागयल्यात**

ता. 27 मार्च 2026

गोंय सरकाराच्या कला आनी संस्कृती संचालनालयान "गोंयांतल्या वारकऱ्यां खातीर मजत येवजण" हे येवजणे खाला गोंयच्या वारकरी (दिंडी) पंगडांची नोंदणी करपाची प्रक्रिया सुरू केल्या. गोंयच्या वारकरी संप्रदायाक वर्सुकीं पंढरपूर वारींत सहभागी जावपाक आनी भक्ती परंपरा सांबाळून दवरपाक मजत करपा खातीर ही येवजण सुरू केल्या. पंढरपूर वारीच्या काळांत  गोंयच्या वारकरी संप्रदायाची योग्य वेवस्था जावची म्हूण ही येवजण आसा.

गोंयच्या सगळ्यां दिंडी पंगडांच्या प्रमुखांनी विहित नमुन्यातलो अर्ज भरून आवश्यक दाखल्या सयत वेळार सादर करचो. तशेंच दिंडीत सहभागी जावपी वारकऱ्यांची म्हायती आनी तपशील तपासपाक जाय, जेणे करून नोंदणी प्रक्रिया वेवस्थित जातली.

नोंदणी अर्ज संचालनालयाच्या www.artandculture.goa.gov.in.  ह्या वेबसायटीचेर उपलब्ध आसा. अर्ज सादर करपाची निमाणी तारीख 10 मे 2026 आसा.

अदीक म्हायती खातीर कामाच्या वेळेत 0832-2404640/638/637/636 चेर संपर्क करचो.

म्हा /सप/   / विगां/ 2026/217

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.